Downloaded From: http://iasexamportal.com

CS (Main) Exam : 2014

**C-DRN-N-MPOC**

# KONKANI

**( COMPULSORY )**

*Time allowed : **Three Hours***

*Maximum Marks : **300***

---

## QUESTION PAPER SPECIFIC INSTRUCTIONS

***Please read each of the following instructions carefully before attempting questions :***

*All questions are to be attempted.*

*The number of marks carried by a question is indicated against it.*

*Answers must be written in **KONKANI (Devanagari Script)** unless otherwise directed in the question.*

*Word limit in questions, wherever specified, should be adhered to and if answered in much longer or shorter than the prescribed length, marks may be deducted.*

*Any page or portion of the page left blank in the Question-cum-Answer Booklet must be clearly struck off.*

---

**Q1.** **सकयल दिल्ल्या खंयच्याय *एका* विशयाचेर सुमार 600 (सशें) उतरांनी निबंद बरयात :** ***100***

(i) राजकारणांत बायलांचे योगदान

(ii) व्यापार क्षेत्रांत चीनी बळीशट जाता आनी भारतीय व्यापाराक धोको आसा .....

(iii) भारतीय समाजांत सोडचीटीचो (Divorce) स्वीकार जावंक लागल्या

(iv) कठोर कायद्यान नैतीकताय हाडूं येता ?



Downloaded From: http://iasexamportal.com

Downloaded From: http://iasexamportal.com

**Q2. सकयल दिल्लो उतारो जतनायेन वाचात आनी ताचेर विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो तुमच्या उतरांनी बरयात :** ***12×5=60***

कितलीशींच वर्सां गेली मनशान आपलें स्थळांतरण करपाक सुरू केलें आसतलें. वैश्विक मळार मनीस स्थळांतरण करीत रावल्या. एक प्रदेशातल्यान दुसऱ्या प्रदेशांत वचपा फाटल्यान खूप कारणां आसतात. जशें पिकाळ जमनीचो सोद करपाक, कुदरती आपदाक लागून, भावार्थ बदलपाक, मान्यतायो घडूंक, अभिव्यक्ती खातीर, आपलो सोद घेवपा खातीर, मेकळेपणाचो सरांव घेवपा खातीर, भटकंतीच्या खेळा खातीर पूण मनीस स्थळांतर करता. आप्रवासन करपी (immigrants) म्हळ्यार आपले संस्कृतीचे वाहक तत्त्व आसता. आपल्या खांद्यार संस्कृतीचो सामान घेवन, आपलें दायज, आपल्या वांगडाच घेवन वचपी आप्रवासी, संस्कृतीकरण प्रक्रियेक चालना दिवपी घटक. आप्रवासन करताना मनीस दुसऱ्या मनशाक मेळटा. वेगळी जाती-जमाती वांगडा मिस्तुराद जाता. जाळा आमी मिस्तीस म्हणटा. ह्या मिश्रणांतल्यान वर्णसंकर जाती, जमाती आनी तांचो समाज तयार जाता. सुरवातेक चकमक जाता, युद्‌ध जाता. काळांतरान व्यापार चलता, वर्णसंकर लग्नां जातात. उद्यमशील व्यापार चलता. संस्कृतीकरणच्या मार्गार सुरवातेक थोडें टेनशन येता पूण हळू हळू सगळें शांत जाता. इतलेंच न्हय तर शांततायेच्या साम्राज्यांत कला आनी शिल्पकारीचो विकास जाता. देवण घेवण संबंद स्थापित जाता. मुक्त वातावरणांत आपले आपले संस्कृतीचो विकास करूंक पावता, आनी एक नवीन समाज आकार घेवंक लागता. विजातीयताय आनी विषमतायेंत विकासी तत्त्वां आसतात. घड्ये आमच्या पुर्वजांनी अशेंच स्थळांतरण करून आपलो विकास केलो आसतलो. घड्ये मंगोलियन लोक हाका लागून अलास्का पावले. Anglo-Saxons लोक ब्रिटनाक पावले. बायबल ह्या पवित्र पुस्तकांत घड्ये मोजेस आपल्या वेंचून काडिल्ल्या लोकांक घेवन promised land आक पावता. कोलंबसाच्या साहसाक लागून, यूरोपीय लोक साहसी जालें आनी वैश्वीक साहस करपाक फुडें सरलें, हयाच काळांत वसाहतो स्थापीत जाता. शासक आनी शासीतांचो समाज स्थापीत जाता. व्यवसाय आनी व्यापार आयजच्या काळाचे शक्तिशाळी प्रेरक तत्वां आसात. हांका लागून व्हडल्या पावंड्यार एका राष्ट्रातल्यान दुसऱ्या राष्ट्रांत आप्रवासन जाता, आयजूय हे चलत रावल्या. मिश्र संस्कृतीकरण प्रक्रियेची ही कांय उदाहरणां आसात. पोन्नी तत्त्वां वतात आनी नवीं तत्त्वां आकार घेता. गरचेजे आसतात तें उरतात, आनी ना तीं तत्त्वां वतात. नश्ट जातात. विलीन जातात. भरसून वता. हजारांनी वर्सां वतात आनी तांका वेगळावप कठीण जाता. खंयचे संस्कृतीचो खंयचों धागो खंय विणून आयला ताका सोदप शक्य जायना. मनीस ज्या प्रदेशात रावता तो प्रदेशूच ताचो आपलो जाता. थंयची झाडां, पेडां, वनस्पत, मोनजात, प्राणी सगळयांतूच आपलेंपण तयार जाल्लें आसता. स्थानीक (Local) आसता तें वेश्वीक (Global) जाता.



Downloaded From: http://iasexamportal.com

Downloaded From: http://iasexamportal.com

आयज जी मिश्र पिळगी (Hyphenated) तयार जाल्या ती पोन्नी विचारसरणी घेवन वा सांबाळून फुडें वचूंक पावची ना. आपली नवीन अस्मिता घेवन ही पिळगी फुडें वचूंक सोदता. बदलत्या विश्वात, समाजांत, आपलो भूतकाळ सोडून फुडें वावरूंक आशेता. दादलो वा बायल एकसूरपणान (Isolation) रावूंक शकना, तशेंच संस्कृतीकरण आनी संस्कृती हेर संस्कृती परस एकटी रावूंक शकना. संस्कृतीकरण प्रक्रियेंत (centripetal) केंद्राभिमुखी आनी (centrifugal) केंद्रत्यागी शक्ती थोड्या काळ मेरेन कार्यरत आसू येता पूण सदांकाळ रावू शकना. अंसख्य पिळग्यांनी आपल्या अस्तित्वांत येवपा पासत प्रार्थना केली आसतली. मनीस आपलो भावार्थ घेवन स्पश्ट रूपान आपल्यापणे रावंक आशेता पूण वांगडाच आमीं हे पूण जाणा की तो संवेदनशील, ग्रहणशील पूण आसा. तो प्रतिक्रिया दाखयता. तो स्वावलंबी आसा तितलोच परावलंबी पूण आसा. मनीस, मनशांचो वंश, DNA, RNA, इतलें सुश्टपणान गुंथिल्ले आसात की ताचो पुराय इतिहास तातूंत मेळटा. मनशाची कुड, मन, आत्मा इतलें संवेदनशील आसता की दुसऱ्यांचो प्रभाव पूण ग्रहण करता. अज्ञानतायेक लागून भंय येता, भंयाक लागून तिरस्कार येता, तिरस्काराक लागून आत्मविश्वास उणो जाता. परिणाम मनीस असक्त जाता, क्षीण जाता आनी मरता. कितल्योय संस्कृतायो नश्ट जाल्ल्यो आसात. व्हडलें सत् हेंच की जर तुका उरूंक जाय तर दुसऱ्याक आपणावपाक, आत्मसात करपाक कळूंक जाय. बरे काय वायट सगळ्यांचो आस्पाव करपाक येवंक जाय.

(i) नवीन प्रदेशांत आप्रवासी लोक आपलें उलोवप कशे करतात ? 12

(ii) पयली लोक स्थळांतरण कित्याक करताले ? आताचे स्थळांतराक कसले बदल दिसतात ? 12

(iii) संस्कृती दुसरी संस्कृती कडेन कशी भरसता ? 12

(iv) पोन्न्यो संस्कृतायो नश्ट जाल्ल्यो ताची कारणां कितें ? 12

(v) संस्कृती एकसूरपणे कित्याक रावूंक शकना ? बरोवपी कसली कारणां दितात ? 12

**Q3. तुमकां दिल्ल्या वेगळ्या कागदाचेर सकयल दिल्ल्या उताऱ्याचो आपरोस बरयात. उताऱ्याचे लांबायेच्या मानान आपरोसाची लांबाय एक तृतियांश आसची. थारायिल्ले लांबायेपरस आपरोस चड लांब वा मोटवो जाल्यार गुण उणे जातले.** 60

आमी जेन्ना जेन्ना नोकरे खातीर अर्ज दितात तेन्ना तेन्ना आपली बरी गजाली आसता ताकाच म्हत्व दितात. आमचे बरे अणभव, बरी माहिती हाचेरूच भर दितात. खूप लोक आपली कमतरता, वायट अणभव, कामा विशींचे वायट कितेंय आसल्यार आमी ते लिपयतात. जेन्ना नोकरी दिवपी हे सगळें वाचतात तेन्ना सगळें अर्ज तांका बरेंच दिसता. सगळेच उमेदवार योग्यतायेचो शिक्को घेवन नोकरे खातीर आशेता.



Downloaded From: http://iasexamportal.com

Downloaded From: http://iasexamportal.com

ह्या संदर्भान एक खेळाडूची सतेवंत काणी आमी वाचूया. विश्वविद्यालयाची फूटबॉल टीम आपली प्रेकटीस करताली. एक खेळाडूची लाइनमेन म्हूण खेळपाची पोजिशन आसली. हो उंच खेळाडू सगळ्यांत फास्ट धांवपी आसलो. एक दीस ताणे आपल्या कोचाक वचून सांगले, आपल्याक सगळ्यांत फास्ट धावपी खेळाडू वांगडा धांवपाची परवानगी दीं म्हूण मांगता. कोच ताका परवानगी दिता.

सद्दां सकाळी ह्या प्लेयराची धांवपाची प्रेकटीस सुरू जाता. तो धांवता पूण हारता. हो क्रम खूप दीस चलता. लाईनमेन आनी रनींग मेनची ही जुगलबंदी रोज सकाळी चलत रावता. कोचाकूय अजाप दिसता. हो फूटबॉलचो खेळगडी. बऱ्यातलो बरो, तरी पूण तो रनींग टीमेत कित्याक धांवता ? हारता तरी धांवता ! रावू नजो जावन कोच एक दीस त्या फूटबॉल प्लेयराक आपयता आनी विचारता तेन्ना तो खेळपी जी जाप दिता ती आमचे पासत देखदिणी आसा –

हांव हांगा धांवता तो कोणाक हरवपा खातीर न्हय. हांव जाणा म्हाका फास्ट धावपाक कळटा, पूण म्हाका आनीक फास्ट धावपाची प्रेकटीस जाय. तुमी पळयले आसतले सर, दिसानदीस म्हजी प्रगती जाल्या. तांचे आनी म्हजे भितरले धांवप हातूंत इल्लो इल्लो बदल जायत रावल्या. हांगा दिसून येता तो खेळाडूचो स्पीरीच्युअल विचार जो ताका सदाकाळ फुडें व्हरता. आमी देवाक फटव शकना. आमचे बरे आनी वायट, शक्ती आनी कमतरता, प्रगती आनी अधोगती. आमी फकत आमचे कार्य करीत रावंक जाय आमका मेळटा वा शेणटा हे म्हत्वपूर्ण न्हय पूण आमी यत्न करीत रावता हे चड गरजेचे आसता. आमच्या भूतकाळांत आमी रावू शकनात.

त्या फूटबॉल प्लेयरान आपली क्षमता वाडोवपा खातीर कितें करचे हे तांणी पारखून घेतले. तो हारतालो तरी पूण शीकतालो. जैत जोडप बरे आसा पूण ताचे परसूय गरजेचे आसता आपली प्रगती. आपली कमी खंय आसा ? ती सोदून काडप आनी ताकाच आपली शक्ती करून घेवप. हातूंतच खरी प्रगती आसा. देवाक आमचे यत्न जाय प्रयत्न जाय. त्या खातीर आमची तयारी जाय, ईमानदारी जाय. जो यत्न करीत रावता तोच सफळ जाता. आयुश्यात सगळें बरेंच आसता अशें न्हय. ताका लिपोवपाची गरज ना. आमची सफळताय आमका शिकयता तशेंच आमची असफळताय पूण आमका शिकयताच. धांवप हेच गरजेचे न्हय पूण कशे धांवप आनी कशे धांवप न्हय हे पूण जाणून घेवप गरजेचे आसता. असफळ जावप म्हळ्यार सफळतायेक लागी करप आसता. (383 शब्दांनी)



Downloaded From: http://iasexamportal.com

Downloaded From: http://iasexamportal.com

**Q4.** सकयल दिल्ल्या उताऱ्याचो कोंकणींत अणकार करात. *20*

Most people involved in the film production industry know that there is a constant evolution. The change is in the way movies are made, discovered, marketed, distributed, shown, and seen. Following independence in 1947, the 1950s and 60s are regarded as the 'Golden Age' of Indian cinema in terms of films, stars, music and lyrics. The genre was loosely defined, the most popular being 'socials', films which addressed the social problems of citizens in the newly developing state. In the mid-1960s, camera technology revolutionized the documentary method by enabling the synchronized recording of image and sound. Today, CINEMA 4D users are free to create scenes without worrying about the size of objects or how many objects are in the scene, shaded settings, texture size, multipass-rendering or eye-catching particle systems.

Until the 1960s, film-making companies, many of whom owned studios, dominated the film industry. Artistes and technicians were either their employees or were contracted on a long-term basis. Since the 1960s, however, most performers went the freelance way, resulting in the star system and huge escalations in film production costs. Financing deals in the industry also started becoming murkier and murkier, since then. According to estimates, the Indian film industry has an annual turnover of ₹ 60 billion. It employs more than 6 million people, most of whom are contract workers as opposed to regular employees. In the late 1990s, it was recognized as an industry.

More money impacted the perception, visual representation, and definitions of reality. Like any other media of mass communication, the themes are relevant to their times.

Thus, film-making became more expensive and riskier. As opposed to the time of the Gemini Studios, when only 5 percent of a movie was shot outdoor, film-makers often select overseas locations in order to create greater realism, manage costs more efficiently or source people and props. Film-makers spend considerable time scouting for the perfect location.



Downloaded From: http://iasexamportal.com

Downloaded From: http://iasexamportal.com

**Q5. सकयल दिल्लो उतारो इंग्लेजींत अणकार करात.** *20*

विनोद म्हळ्यार मनशां भितरली एक कला. एक क्षमता जी दुसऱ्याक आनंद दीता, हासयता, हास्यात्मक परिस्थिती तयार करता. मनशां खातीर एक मानवीय संचरण, जाका लागून त्या प्रकारची भावना उदेता जी दुसऱ्याक हासयता, खेळयता, खुशी दिवपाचो यत्न करता.

समिक्षा म्हळ्यार निर्णय दिवपाचो यत्न, वा माहितीचे विश्लेशण करून तातूतल्यान हयकारी रूपान संप्रेषित करून लोकांमेरेन तो विचार पावोवप आसता. न्हयकारी तत्वांचो विचार पूण जाता जाका लागून समाजांत बऱ्याचो स्वीकार जाता आनी वायटाचो अस्वीकार करपाक प्रेरणा मेळटा. कोणाचेच अपमान करपाचो हेतू धरून समिक्षा करूंक मेळना.

व्यंग पूण समीक्षक खातीर एक आयुध आसा. हांगा विनोद करपाचो यत्न नासता पूण व्यक्तीगत वा समूह हांचे कुशळतायेन निरूपण जाता आनी बौद्धिकतायेन ताचो वापर करून आपली गजाल मांडपाचो यत्न जाता.

व्यंगात एक निशान साधपाचे आसता हातूंत एक वा अनेक लोक आसूं येता. एक विचार वा वागणूक, एक संस्था, सामाजीक प्रेक्टीस अश्या संदर्भान ताचो उपेग जाता.

व्यंगाचे आनीक एक खाशेलेपण आसा. कोणाक वायट दिसचे न्हय वा वेगळो अर्थ लावून घेवचो न्हय पूण ताचो वापर वक्रता वांगडा करून घेवचो आनी लोका मेरेन आपलो विचार पावोवपाची आसता.

व्यंग म्हळ्यार मनशाची वा संस्थाची वायट वृत्ती, प्रवृत्ती, कमतरता, व्यसनां, मान्यतायो, भावार्थ हांका माचयेर हाडून समाज बदलपाचो प्रयत्न स्पश्ट आसता. कलात्मकतायेन मनशाक वा समाजाक सुधारपाक हाचो उपेग जाता. Horace च्या विचार प्रमाण व्यंग करपी मात्शे हांसवून आपले काम सादून घेता.

**Q6. (अ) सकयल दिल्ल्या म्हणींचो अर्थ बरयात :** *2×2=4*

(i) जनाची ना तर मनाची तरी लज धर.

(ii) सांगतेले जाय तें आसात पूण करतेले थोडें.

**(आ) वाक् प्रचारांचो अर्थ बरोवन वाक्यात उपेग करात.** *2×3=6*

(i) आंग काडून घेवप

(ii) थोमणो मारप

(iii) मरणाची घडी तेकप



Downloaded From: http://iasexamportal.com

Downloaded From: http://iasexamportal.com

**(इ) विरोधी अर्थ बरयात :** *1×5=5*

(i) विदेश

(ii) शिस्त

(iii) दुख

(iv) फाटीं

(v) अर्थ

**(ई) समानार्थी शब्द बरयात :** *1×5=5*

(i) आपत्ती

(ii) अहंकार

(iii) चैतन्य

(iv) चिके

(v) भलायकी

**(उ) सकयल दिल्ल्या जोड्यांमदलो वाक्य प्रयोग असो बरयात की तांच्या मदलें अर्थांतर स्पश्ट जातलें :** *3×5=15*

(i) माळ – माळ

(ii) चार – चार

(iii) गांळ – गांळ

(iv) मांड – मांड

(v) जाळ – जाळ

**(ऊ) सकयल दिल्ल्या उतरांची पुर्लिंगी रूपां बरयात :** *1×5=5*

(i) विरांगना

(ii) मास्तरीण


(iii) शाणें

(iv) घरकान्न

(v) दादी



Downloaded From: http://iasexamportal.com




## What you will get:


- 100% G.S. Syllabus Covered
- 8+ Booklets
- More Than 2500+ Pages
- Guidance & Support from Our Experts

## Our Objectives:

- Firstly to cover 100% civil service Mains examination (IAS) syllabus.
- Secondly to compile all the required study materials in a single place, So to save the precious time of the aspirants.

For More Information Click below Link

http://iasexamportal.com/civilservices/study-kit/gs-mains




---

# Online Coaching for IAS Mains General Studies I, II, III & IV (Combo)

---

## What you will Get (?)

- **General Studies (Paper – I, II, III & IV) Online 100 % Reading Material of the Syllabus (Which can be saved easily)**
- **Slides (For Giving Summary of Each Topics)**
- **Categorized Unit and Sub-Unit Wise Question Papers of General Studies**
- **Current General Studies Magazine (Indispensable Magazine for General Studies)**
- **Daily Answer Writing Challenge for IAS Mains Contemporary Issues**
- **It is full of tips on areas of emphasis, caution while reading and writing , how to write the answer (?) .**
- **Model Test Question Paper for General Studies - I, II, III and IV for Mains Exam 2015**
- **Online and Telephonic interaction with the course director, and continuous evaluation through a regular online writing session in every chapter and topic.**

For More Information Click below Link

http://iasexamportal.com/civilservices/courses/ias-mains-gs-combo




# G.S. FOUNDATION COURSE (PRELIMINARY+ MAINS)

---

**Dear Aspirants,**
The Indian Civil Services examination is conducted by the Union Public Service Commission (UPSC) every year.

The competitive examination comprises of three stages :

- Preliminary Examination – (Objective Test)
- Main Examination (Written )
- Interview Test

The examination schedule is announced during January - February.

The Preliminary held in May-June and the results are announced in July-August.

The Main examination held in October-November and the candidates those who qualify at this stage are invited to the interview in March-April next year.

## We will provide you:

- BOOKS
- STUDY KITS
- MAGAZINES
- Mock Test Papers
- Monthly Magazine- Civil Services Mentor
- Gist of Important Newspapers
- Free Access to Online Coaching at IASEXAMPORTAL
- Previous Year paper's with solution
- Previous Year question's trend analysis
- Free Login Access worth Rs 1999 for IAS PRE 2015
- Free Gist Subscription worth Rs 449
- Free Weekly Subscription worth rs 399
- TELEPHONIC/EMAIL GUIDANCE WITH COURSE CO-ORDINATOR

**For More Information Click Given below link:**

http://iasexamportal.com/civilservices/study-kit/ias-pre/general-studies-foundation-course